‘मुख्यमंत्री देवदर्शन यात्रा’ येवजणे खाला दुसरी खाशेली ट्रेन मडगांव स्टेशनांतल्यान आयज अयोध्येक वचपाक भायर सरली. राज्यांतल्यान वट्ट 1400 भक्त हातूंत आसा. उपरांत आनीक दोन ट्रेनी अयोध्येक वतल्यो अशें ह्यावेळार सांगलें.सोमारा दनपारां 2 वरांचेर मडगांवच्यान रेल्वेक पांचवो बावटो दाखयलो. दक्षीण गोंयचे भक्त मडगांवच्यान, जाल्यार उत्तर गोंयचे भक्त थिवी स्टेशनावेल्यान रेल्वेंत बसले. ह्या वेळार आमदार कृष्णा साळकार, आमदार संकल्प आमोणकार, आमदार उल्हास तुयेकार आनी आमदार तशेंच जीटीडीसीचे अध्यक्ष केदार नायक हाजीर आशिल्ले. समाजकल्याण खात्याचे संचालक दीपक देसाय हे ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले.मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची मान्यताय मेळ्ळे उपरांत अंदूं ‘मुख्यमंत्री देवदर्शन यात्रा’ येवजणेची नवी सुरवात जाल्या. ह्या वर्साची पयली ट्रेन वालांकिनी सायबिणीच्या दर्शना खातीर गेली, जाल्यार आतां दुसरी ट्रेन अयोध्येच्या राम देवळांतल्या श्री रामाच्या दर्शना खातीर भायर सरल्या.ह्यावेळार उलयताना पर्यटन उदरगत महामंडळाचे अध्यक्ष केदार नायक हांणी अयाेध्येक राम मंदीर पुराय जाल्ल्यान ते पळोवपाची संद हे यात्रेवरवी भाविकाक मेळ्ळ्या अशें म्हळें. जाल्यार आमदार साळकार हांणी हे येवजणेखाला मुस्लीम भावांखातीर अजमेर यात्रा सुरु करची अशी मागणी केली. ह्या भाविकांबरोबर एक वैजकी पंगड आनी पुलिसांची वेवस्था केल्या अशी म्हायती संचालक दीपक देसाय हांणी दिली.

भारतीय जनता पक्षाच्या राष्ट्रीय अध्यक्षांच्या निवडी खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे, भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत तशेच हेर पदाधिकारी आयज दिल्ली गेले. भारतीय जनता पक्षाच्या राष्ट्रीय अध्यक्षांची निवड फाल्या मंगळारा 20 तारखेक जावपाची आसा. नामांकन तशेच वेंचणुकेत वाटो घेवपा खातीर गोंयचे मंत्री तशेच पक्षाचे पदाधिकारी आयज दिल्ली गेल्या. भाजपचे राष्ट्रीय अध्यक्ष म्हूण नितीन नबीन हांची निवड निश्चित आसा.

26 जानेवारी 2025 दिसा प्रजासत्ताक दीस मनयतले.राज्य पातळेचेर प्रजासत्ताक दीस कार्यावळ सकाळीं 8.15 वरांचेर ताळगांव पठाराचेर गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर जातली. राज्यपाल पुसपती अशोक गजपती राजू तिरंगो  उबारून राष्ट्राक सलामी दितले आनी उपरांत गोंयच्या लोकांक मार्गदर्शन  करतले.स्थळार पावतकच मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत आनी मुखेल सचीव डॉ.व्ही. कांडावेलु राज्यपालांक येवकार दीतले

बिल्वदल-सांखळी ह्या संस्थेन पयलेच फावट कै. रामचंद्र साखरदांडे स्मृती राज्य शिक्षक पुरस्कार जाहीर केल्यात.

बुधवार २१ जानेवारी २०२६ ह्या दिसा जावपी ह्या सुवाळयात

यशश्री नाईक - प्राथमिक शिक्षिका

बबिता नार्वेकर - पूर्व प्राथमिक

निलांगी शिंदे - माध्यमिक

कविंद्र फळदेसाई - उच्च माध्यमिक विद्यालय
अनिल वायंगणकर - कुशल कारागीर प्रशिक्षक
करुणा सातार्डेकर - महाविद्यालय
आनी डॉ. शशांक मक्तेदार - संगीत महाविद्यालय हांका हे पुरस्कार जाहीर जाल्यात.प्रा. दिलिप बेतकीकर तशेच आयएमबी अध्यक्ष दशरथ परब हांच्या हस्तुकी हे सन्मान भेटयतले. २१ जानेवारी दिसा इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभागृह, पणजी - हांगा सांजे ४ वरांचेर हो सुवाळो जातलो अशे बिल्वदल-सांखळी संस्थेच्या जाळवण दारानी कळीत केलां.

आकाशवाणी पणजेच्या उच्च शक्ती प्रसारण केंद्रांत भारत सरकाराच्या कर्मयोगी प्रशिक्षण कार्यावळी खाला कर्मयोगी प्रशिक्षण कार्यावळ घडोवन हाडली तातूंत आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे सगळे कर्मचारी आनी अधिकारी वांटो घेतालो आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे उपमहासंचालक संदीप श्रीवास्तव हयांचे हस्तुकी प्रशिक्षण सत्राचें उक्तावण जाले.करतना हांणी सांगलें की, कर्मयोगी प्रशिक्षणान कर्मचाऱ्यांच्या कामाच्या दर्ज्यांत खूब सुदारणा जाल्या आनी फुडाराकूय अशें प्रशिक्षण चालूच उरतलें. उपसंचालक जे विमलन आनी बी नरेश रमण हांणी ह्या अधिवेशनाचें संचालन केलें.

मोरजी दर्यादेगेर आतां मेरेन, ह्या हंगामांत सुमार 15 ऑलिव्ह रिडली कांसवांनी 1500 वयर तांतयां घाल्यांत. रान खात्यान दर्यादेगेवेल्या ह्यााततयांची सुरक्षीतताय आनी राखण करून सुरक्षीत उब दीवपाची सुवात राखुन दवरल्या.थळाव्या स्वयंसेवकां वांगडा रान खात्यान ह्या वाठाराचेर बारीक नदर दवरून धोक्यांत आशिल्ल्या ह्या कासवांच्याा जातीं खातीर सुरक्षीत वातावरण मेळचें. तशेंच तांतया घालपी कांसव आनी पिलां अडचणींत पडपी लायटी, आवाज आनी कार्यावळी खेरीज दवरून कासवाच्या प्रजननाक सहकार्य करचें अशें आवाहन रान खात्याच्या अधिकाऱ्यांंनी ह्यावेळार केलां.

एनएफएसयू गोवा कॅम्पसान "तपास महासंचालनालय, आयकर विभागा खातीर डिजिटल फॉरेंसिक" ह्या विशयाचेर पांच दिसांच्या प्रशिक्षण कार्यावळीच्या 11व्या गटाचें उक्तावण आज सोमार, १९ जानेवारी २०२६वेर फोंडा कॅम्पसांत जाले. येणावळ कराची अतिरिक्त आयुक्त श्रीमती मंजू ठाकुर हांणी मुखेल सोयरी म्हूण प्रशिक्षण कार्यावळीचें उक्तावण केलें. एनएफएसयू गोंय कॅम्पसाचे डीन (शिक्षणीक) डॉ लोकेश चौहान हांणी येवकार करून तपास अधिकाऱ्यां मदीं प्रगत न्यायालयीन आनी तंत्रीक क्षमता निर्माण करपा खातीर विद्यापिठाची वचनबद्धताय उक्तायली. एनएफएसयू गोंय कॅम्पसाचे उपनिबंधक श्री सुंदरलाल शर्मा हांणी आयकर खात्याच्या सहकार्याची आनी डीजीआयटी प्रशिक्षण उपक्रमाच्या सतत यशाची तोखणाय करून उपकार मांडलो. उक्तावण उलोवप करतना श्रीमती ठाकुर हांणी नेटान विकसीत जावपी अर्थीक गुन्यांवांच्या मुखार सतत कुशळटाय विकासाची गंभीर गरज

उक्तायली. कर अधिकाऱ्यांची डिजिटल तपास क्षमता वाडोवपाचो हेतू आशिल्ल्या आयकर खातें आनी एनएफएसयू हांचे मदल्या म्हत्वाच्या चालू सहकार्याचें प्रतिनिधित्व हें प्रशिक्षण करता अशें म्हळें. उल्लेखनीय म्हणल्यार एनएफएसयू गोंयान आतां मेरेन 2025-26 वित्तीय वर्सा डीजीआयटी खात्यांतल्या तपास फांट्याच्या 3143 अधिकाऱ्यांक प्रशिक्षण दिलां. पांच दिसांचें सघन प्रशिक्षण (19-23 जानेवारी 2026) मॉड्यूल आधुनीक अर्थीक तपासणेच्या विकसीत जावपी गुंतागुंतां कडेन जुळोवन सराव-प्रधान आसपाक तयार केलां. अभ्यासक्रमांत अधिकाऱ्यांक डिजिटल पुरावे मेळोवप, मोबायल आनी संगणक फॉरेंसिक, अर्थीक गुन्यांवांतल्या सायबर ट्रेलांचो मागोवप अशा गंभीर वाठारांनी हाताळणी अणभव मेळटा. ह्या प्रशिक्षण कार्यावळीचें टिकून उरिल्लें यश चड करून एनएफएसयू गोंय कॅम्पसाचे कॅम्पस संचालक प्रा.(डॉ.) नवीन चौधरी हांच्या प्रभावी फुडारपणाक आनी सतत आदाराक लागून जालां, जांणी दर्जेदार प्रशिक्षण दिवपाच्या वचनबद्धतेन दरेका बॅचा खातीर उंचेलो मानक थारायला.

गोंय सरकार, कला आनी संस्कृती संचालनालयान 20 जानेवारी ते 29 जानेवारी 2026 मेरेन लोकोत्सव घडोवन हाडला.ह्या वर्सुकी लोकोत्सव-2026 भारतभरांतल्या लोककला आनी हस्तकलेचो सोबीत मिश्रण सादर करतले अशी म्हायती कला संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हाणी दिली. ह्या वेळार दिग्दर्शक विवेक नायक हाजीर आशिल्ले.कला अकादमीच्या दर्या संगम हांगा हो महोत्सव आयोजीत करतले. ह्या वेळार सुमार ५०० लोक कलाकार आपल्या राज्यांतले आनी महोत्सवांतले वेगवेगळे लोकनाच आनी संगीतसादरकरतले. लोकोत्सव-२०२६त
गोंय, राजस्थान, गुजरात, आसाम, मणिपूर, हरियाणा, अस्तंत,बंगाल, उत्तराखंड, छत्तीसगढ, महाराष्ट्र , कर्नाटक, उत्तरप्रदेश, बिहार, ओडिशा, मध्य प्रदेश, सिक्किम, त्रिपुरा, जम्मू-काश्मीर, केरळ हांगाच्या लोककलाकारांक आनी कारागिरांक तांच्या लोककला सादर करपाक आमंत्रित केल्यात.

भारतीय वैजकी संघटनेच्या तिसवाडी शाखेच्या 2026 वर्साच्या नव्या कार्यकारी समितीचो स्थापन सुवाळो आयतारा जालो. पणजेच्या हॉटेल डेलमोन हांगा जाल्ल्या कार्यावळींत अध्यक्ष म्हणून डॉ निलेश तळवडकर, सचीव म्हणून डॉ विराज कांदोलकर आनी कोषाध्यक्ष म्हणून डॉ सस्मीत लोटलीकार हांची नेमणूक जाली. तेचप्रमाण आय.एम.ए गोंय राज्य अध्यक्ष डॉ श्रद्धा पाटील मुखेल सोयरे आनी स्थापणूक अधिकारी आशिल्ले.

गोंय विद्यापिठान आयोजीत केल्ल्या आंतर महाविद्यालयीन बायलांच्या पॉवरलिफ्टिंग सर्तींत मीरामारांतल्या व्ही.एम.सालगांवकार लॉ कॉलेजीचा पंगडान खिताब जिखलें

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३1.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **19** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.